10.02.2026 सकाळी 7.25 वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र
प्रादेशिक खबरा विभाग
प्रादेशिक खबरो

Gen z आनी gen alpha पिळगेतल्या विद्यार्थ्यांक शिकोवपाक सगळ्या शिक्षकांनी तंत्रगिन्यानाच्या नदरेन तयार जावंचे पडटले अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मागला. ते काल गोवा शालांत मंडळाच्या भांगरा उत्सवी वर्सा निमतान परवरे मंडळाच्या वास्तूत खासा कार्यावळीचे मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले. गोवा शालांत मंडळाची वास्तू फुडल्या पिळग्यांक प्रेरणादायी थारू अशें तांणी मागले. गोवा शालांत मंडळान सगळ्या सोई सुविधांचो लाव राज्यातल्या विद्यार्थ्यांक दिवंचो अशेय तांणी सुचयलें.

काल जाल्ल्या ह्या कार्यावळींत , ज्ञान व्दार , गुरुकुल , रत्न संकलन , लोक पथ , विज्ञान आनी कला प्रदर्शन, परख केंद्र, प्रज्ञा पथ अशा वेगवेगळ्या सुवांतींचे मुखेलमंत्र्यांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले.

आदिवासी उदरगत मंत्री रमेश तवडकार हांणी आयज आदिवासी खात्याच्या अधिकाऱ्यां वांगडा बसका घेतली.हे बसकेंत वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा जाली, खास करून आदिवासी इमारती बांदप, आदिवासी खात्या खाला प्रकल्प आनी हेर विशयांचेर चर्चा जाली.प्रसार माध्यम प्रतिनिधीं कडेन उलयतना मंत्री रमेश तवडकार हाणी आदिवासी भवन बांधपाची प्रक्रिया वेगान हातात घेतले आणि जाईल ते रोखडेच पुराय करतले अशे सांगले.

आयज गोंयभर राष्ट्रीय कृमी निर्मूलन दीस पाळतले. ह्या दिसा 1 ते 2 वर्सां पिरायेच्या सगळ्यां भुरग्यांक आल्बेन्डाजोल 200 मीलीग्राम आनी 2 ते 19 वर्सां पिरायेच्या सगळ्यांक आल्बेन्डाजोल 400 मीलीग्राम ही दंतनाशक गुळी दितले. हो कार्यक्रम यशस्वी करपा खातीर सगळें पालक, शिक्षक आनी अंगणवाडी कर्मचाऱ्यांनी पुराय सहकार्य दिवपाची विनंती भलायकी सेवा संचालनालयाच्या राज्य कुटुंब कल्याण मंडळान केल्या.

धाव्वी नापास जाल्ल्या भुरग्यांक आता शालान्त मंडळावरवी धावी पास जावपाची संद मेळटली. दरेका म्हालात एक विद्यालय हाचे खातीर केंद्र म्हूण स्थापन जातलें, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगला. काल पर्वरे शालान्त मंडळाच्या इमारतीच्या उक्तावणा वेळार ते उलयताले.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजीत चडांत चड तापमान ३४.५ डिग्री सेल्सियस तर उण्यात उणे २०.6 डिग्री सेल्सियस नोंद जाला.